Panaji regional news

09 Jan 2026,7.20pm

## विधिकार दिस कार्यावळ

फाटल्या कांय वर्सांत सरकारान राज्यांत जायती उदरगतीची कामां केल्यात. फुडाराकय गोंयच्या लोकांच्या फायद्या खातीर कामां जातलीं. गरज पडल्यार ते खातीर गरजेचे कायदेशीर उपाय करतले अशें आश्वासन मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिले. पर्वरे विधिकार दिसाच्या कार्यावळींत ते उलयताले. ह्या वेळार सभापती गणेश गांवकार, विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमांव, नॅशनल फॉरेंसिक युनिव्हर्सिटीचे डॉ. जे एम व्यास आनी हेर आदले आमदार हाजीर आशिल्ले. 2000 वर्सा उपरांत राज्यांत पर्यटन आनी हेर उद्देग धंदे वाडले. राज्याची उदरगत जाली तशें कांय दुश्परिणामूय दिसूंक लागले. वाडपी उद्देगीकीकरणा वांगडा गोंयांत स्थलांतर जावपाचें प्रमाणूय वाडलें. ह्या स्थलांतरीत कामगारांक लागून कांय समस्या निर्माण जाल्यात. हाका लागून थळाव्या लोकांक त्रास जातात आमकां खबर आसा. हे बाबतींत योग्य वेळार आमी योग्य निर्णय घेतले, अशे मुखेलमंत्र्यांन सांगलें.फाटल्या कांय वर्सांत गुन्यांव आनी गुन्यांवकारांची पद्दत बदलल्या. हे खातीर डिजिटल साक्षरता, सायबर सुरक्षा, फॉरेन्सिक विज्ञान ह्या विशयांचे गिन्यान आसप गरजेचें आसा, अशें डॉ. व्यास हांणी सांगलें.

## फीश फेस्टीवला

नुस्ते हे गोंयच्या सञ्चया जीणेचो भाग, ताका लागुन नुस्ते पोसवण, नुस्तेमारी आनी शाश्वत पध्दतीन एक्वा कल्चर करपाची गरज आसा अशे मुखलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. गोंयात निल क्रांतीच्य माध्यमातल्यान ब्लु- इकोनोमिक परजळीत फुडार आसा अशे तांणी म्हणले. प्रधानमंत्री मत्स संपदा येवजणेवचो लाव घेवन गोंयांत एक्वा कल्चर आनी मरीन लायफ सामांळुन शाश्वत पद्दतीन नुस्ते पोसवण आनी नुस्तेमारी मलाक फुडे वरपाक सरकार काम करता अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.३ दिसाच्या गोवा एक्वा मेहगा फीश फेस्टीवलाच्या फांटभुयेंर आयोजित नुस्तेमारी आनी एक्वा कल्चर ह्या राश्ट्रीय परीशदेच्य उत्तावण

सुवाळयावेळार ते उलयताले. ९ – ११ ह्या काळात गोंय नुस्तेमार कात्यान पणजे दयानंद बांदोडकार मैदानाचेरं ह्या महोत्सवाचे आयोजन केला.

cm

ह्यावेळार उलयतना नुस्तेमार खात्यचे मंत्री निळकंठ हळर्णकार हांणी गोयचो नुस्ते पोसवण आनी नुस्तेमारी मळाक लागपी साधन सुविदा, तशेचं नियोजन , आनी पारंपारीक तशेंच यांत्रिकी नुस्तेमारी, नुस्तेमार उद्देग, तशेच नुस्तेमारी आनी पोसवणीविंशी हेर साधन सुविधा उबारपाक सराकार काम करता अशी म्हायती दिली.

ह्यावेळार गोंय नुस्तेमार आनी नुस्तेपोसवण खात्याचे सचिव प्रसन्न आचार्य, लंचालक चंद्रकांत वेळीप, केंद्रिय नुस्तेमार मंत्रालयाची जोड सचिव नितु कुमारी प्रसाद, आय. सी.ए.आर. चे संशोधक डॉ. कालिदास तशेचं हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. ही परीशद तीन दिस पणजे नोवेटेल होटेलात चलतली. जाल्यार गोवा मेगा फीश फेस्टीव्हल डी. बी. बांदोडकार मैदानाचेंर जातले . हांतुन गोंयचे सुमार १० हजार सुमार नुस्तेमारीतले जाळवणदार, राश्ट्रीय एक्का कल्चर अभ्यासक, संशोधक, ह्या विशयाचे शिक्षण घेवपी विद्यार्थी, नुस्ते मारी वेवसायिक तशेच ह्या मळावेले हेर मानेस्ताचो आसपाव आसा.

लायन्स रिपब्लिक रन

1) दिवचल लायन्स क्लब आनी वेदांता सेझा गोवा हांच्या जोडपालवान आयतार 11 जानेवारी 2025 या दिसा दिवचल शहरात लायन्स रिपब्लिक रन ही कार्यावळ आयोजित केल्या. दिवचल हांगसर घेतलेल्या पत्रकार परिषदेत दिवचलचे आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेट्ये हाणीं ही माहिती दिली .या विषयार उलयताना डॉक्टर शेटये हाणीं सांगले की येता ते आयतारा 11 तारखेर सिद्धेश अमोणकर समर्पित आणि वेदांता सेजा गोवा यांच्या आधारान ही कार्यावळ जातली . सुमार आठशे लोक हातून वाटेकार जातले अशें लायन्स क्लब ऑफ बीचोलीम च्या जाळवणदारानी सांगला.

मुख्यमंत्री देवदर्शन यात्रा

मडगाव: गोंय सरकाराच्या मुख्यमंत्री देवदर्शन यात्रा येवजणेखाला आयज सुमार ९०० भाविक वालंकिणी यात्रेक वचपाक भायर सरले. आयज मडगावासावन भायर सरिल्ले खाशेले रेल गाडयेक समाजकल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी निरोप दिलो.

ह्या येवजणेखातीर गाेंय सरकारान धा कोटी रुपयांची तजवीज केल्ली आसून तातूंतले दोन कोटी रुपया आतामेेरेन खर्च केल्यात. उरिल्ल्या ८ काेटी रुपयांतल्यान आनीकूय अश्यो यात्रा जातल्यो. हेच येवजणेखाला १९ जानेवारी दिसा अयाेध्या हांगा वचपी रेलगाडी मडगावांतल्यान भायर सरतली अशें तांणी सांगलें.

आयज सकाळी १० वरांचेर वालंकिणी वचपी भाविकांक घेवन मडगाव रेल्वे स्टेशनावयल्यान गाडी भायर सरली. फाल्या १० जानेवारी दिसा सकाळी ही गाडी वालंकिणीक पावतली. उपरांत सगळया भाविकांक वालंकिणी चर्चीत सायबिणीच्या दर्शनाक व्हरतले. थंय मीस जातले. उपरांत रातच्या १० वरांचेर ह्या भाविकांक घेवन परत गोंयां येवपाखातील रेलगाडी भायर सरतली. ११ जानेवारी दिसा रातचे ११ वरांचेर ही गाडी मडगांवां पावतली.

भतग्राम विशेषांक

2) बिंब परिवार,दिवचल कोकणी सेवा केंद्र आनी साखळी कोकणी सेवा केंद्र हांच्या जोडपालवान आयतार 11 तारखेर बिंब मासिकाचो रौप्य महोत्सवी भतग्राम विशेषांक प्रकाशन सुवाळो दिवचल शहरात जातलो .ही कार्यावळ दिवचलच्या छत्रपती शिवाजी महाराज शाळा संकुलात सकाळी साडेनऊ वरांचेर जातलो. उक्तावण सुवाळयाक मुखेल सोयरे म्हणून मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हजर आसतले. त्यांच्यासांगातान दिवचलचे आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेटये, मये मतदार संघाचे आमदार प्रेमेन्द्र शेट, दिवचल नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष विजयकुमार नाटेकर हजर आसतले. समारोप सुवाळयाक मये मतदारसंघाचे आदले आमदार तशेच उद्योजक प्रवीण झांटये मुखेल सोयरे म्हुण हजर आसतले .त्यांचे सांगतान गोवा कोकणी अकादमीचे अध्यक्ष पूर्णानंद च्यारी आनी हेर मानेस्त हजर आसतले.

## विज्ञान आनी कला प्रदर्शन

3) आत्मोद्धर संघ साखळी च्या प्रोग्रेस हायस्कूल साखळी चे विज्ञान आनी कला प्रदर्शन फाल्या शेनवार 10 जानेवारी ते सोमवार 12 जानेवारी 2025 अशे तीन दिस जातले. सकाळी 9:30 ते सांजे साडेपाच वरा मजगती जावपी हे प्रदर्शन सगळयांखातीर उक्ते आसतले .कला आणि विज्ञान प्रदर्शनाच्या उक्तावण सुवाळयाक पद्मिनी फाउंडेशनची अध्यक्ष सुलक्षणा सावंत मुखेल सोयरी म्हुण हजर आसतली. त्यांचे सांगतान शिक्षण खात्याचे उपसंचालक डॉक्टर उदय गावकर हजर आसतले .या कला आनी विज्ञान प्रदर्शनात चढानचढ लोकांनी हजर रावचे अशे आवाहन साखळी प्रोग्रॅस हायस्कूलच्या जाळवणदारानी केला.

## अंडरपास प्रकल्पाचे लोकार्पण

फोंडा येथील कदंब बसस्थानक जवळ ऐंशी कोटी रुपये खर्च करून उभारण्यात आलेल्या वाहतूक अंडरपास प्रकल्पाचे लोकार्पण मंत्री कामत यांच्या हस्ते करण्यात आले. यावेळी वीज मंत्री सुदिन ढवळीकर, सरपंच रामचंद्र नाईक, उपसरपंच चित्रा फडते, जिल्हा पंचायत सदस्य गणपत नाईक, माजी जि.पं. सदस्य दामोदर नाईक, मुख्य अभियंता दत्तप्रसाद कामत, हरिष तानावडे उपस्थित होते.कदंब बसस्थानकाजवळील वाहतूक अंडरपासचे काम हे दर्जेदार झालेले आहे. काम करत असताना सर्व बाबींचा विचार करण्यात आल्याने लोकांना या प्रकल्पाचा निश्चित फायदा होईल. तसेच दळणवळणासाठी हा प्रकल्प वरदान ठरू शकतो. प्रकल्प 1 राबवताना तो लोकांना फलदायी होतील याची काळजी आम्ही घेत आहोत, असे सार्वजनिक बांधकाम मंत्री दिगंबर कामत म्हणाले